# मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात संगीत नृत्य कार्यावळ

ता. 7 फेब्रूवारी 2018
18 माघ 1939

गोंय सरकारच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान भारतीय सांस्कृतीक संबंद मंडळ आनी मिनेझिस ब्रागांझा संस्था हांच्या जोड पालवान ता. 11 फेब्रूवारी 2018 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर पणजेच्या मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात 'अतिरथी' (पराक्रमी भाव) ह्या संगीत-नृत्य सादरीकरण कार्यक्रमाचे आयोजन केला. महाभारतातल्या कर्ण आनी अर्जून ह्या पराक्रमी योद्द्यांच्या पात्रांचेर आदारीत हो संगीत-नृत्य कार्यक्रम आसून अर्जूनाच्या भुमिकेत कोलंबीयाचे इंडियन मार्शल आर्ट प्रशिक्षित कॅरोलिना प्रदा आनी कर्णाच्या भुमिकेत इंडियन कंटेम्परी नृत्य प्रशिक्षित सुभाषिश डे हे संगीत-नृत्य सादर करतले.

संगीत-नृत्य प्रेमी आनी सगळ्या इत्सूकांनी ह्या कार्यक्रमाक मोठ्या संख्येन हजर रावचे आनी संगीत-नृत्याचो आनंद घेवचो अशें आयोजकांनी मागला.